**अंत्योदय अन्न येवजण लावधारकां खातीर  एलपीजी सिलिंडर भरपाक अर्थिक मदत येवजण**

ता. 2 ऑगस्ट  2023

गोंय सरकारान अंत्योदय अन्न येवजण लावधारकांखातीर “एलपीजी सिलिंडर भरपा खातीर मुख्यमंत्री  अर्थिक मदत येवजण 2023” अधिसुचीत केल्या. हे येवजणेखाला एलपीजी सिलिंडर विकतो घेवपी अंत्योदय अन्न येवजण लावधारकांक म्हयन्याक 275/- रूपयांची अर्थिक मदत दितले. ही रक्कम थेट लावधारक कुटुंब प्रमूखाच्या बँक खात्यात जमा करपात येतली.

त्या खातीर राज्यांतल्या सगळ्यां अंत्योदय अन्न येवजण लावधारकांनी 7 ऑगस्ट 2023 मेरेन आपल्या संबंदीत तालुक्यातल्या नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्याच्या कचेरीत भेट दिवन आपल्या बँक खात्याची म्हायती आनी मोबायल नंबर तपासून घेवचो, अशें नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्यान कळीत केला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/594

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.